29.06.2026 6.30 Pm

Murmu 50

द्रौपदी मुर्मू आयज नवी दिल्लीच्या राष्ट्रपती भवनांत 2026 वर्साच्या दुसऱ्या ‘संरक्षण गुंतवणूक सुवाळ्यांत’ शौर्य पुरस्कार भेटयतली. संरक्षण दळ, केंद्रीय सशस्त्र पुलीस दळ आनी राज्य/केंद्रशासित प्रदेशांच्या पुलीस दळाच्या जवानांक राष्ट्रपती आज सांजवेळा 5 वरांचेर शौर्य पुरस्कार भेटयता.सशस्त्र दळ, केंद्रीय सशस्त्र पुलीस दळ आनी हेर सुरक्षा संघटनां च्या कर्मचाऱ्यांनी दाखयल्ल्या असाधारण शौर्याची दखल घेऊन हे पुरस्कार दितात.

मोदी 70

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलें की, तांणी आपल्या सेशेल्स भेटींतल्यान म्हत्वाचे परिणाम साध्य केल्यात , जाका लागून भारत आनी सेशेल्स हांचे मदली इश्टागत आनीक घट जातली. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत प्रधानमंत्र्यान नमूद केले की, फाटल्या पन्नास वर्सांत दोनूय देशां मदले संबंद खोलायेन विस्वास आनी सामायिक प्रगतीचेर आदारीत आसात; जाल्यार फुडली पन्नास वर्सां नाविन्य, शाश्वतता आणि सामायिक समृद्धीच्या दृष्टीन म्हत्वाचीं थारतली. तशेंच सेशेल्साच्या स्वातंत्र्याक 50 वर्सां पुराय जाल्ल्यान आयोजीत केल्ल्या ‘राष्ट्रीय दीस’ सुवाल्याक हाजीर रावपाची खोस तांणी उक्तायली. Byte pm

शाह 40

हरियाणा आनी राजस्थान हांचे मदल्या उदक वांटपाच्या कबला सय करपा खातीर आयज केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह हांच्या अध्यक्षते खाला नवी दिल्लींत बसका जाली. हे बसकेंत केंद्रीय जल शक्ती मंत्री सी. आर. पाटील, हरियाणाचे मुख्यमंत्री नायब सिंग सैनी आनी राजस्थानाचे मुख्यमंत्री भजनलाल शर्मा हांचोय आस्पाव आशिल्लो.

खर्गे 55

काँग्रेसीचे अध्यक्ष मल्लिकार्जुन खर्गे हांणी आयज नवी दिल्लीच्या संसद घरांत राज्यसभेचे वांगडी म्हूण सोपूत घेतलो. कर्नाटकांतल्यान राज्यसभेत फेरनिवड जावन वेंचून आयिल्ल्या खर्गे हाका उपराष्ट्रपती आणि राज्यसभेचे सभापती सी. पी. राधाकृष्णन हाणी सोपूत दिलो. ह्या वेळार केंद्रीय संसदीय कामकाज मंत्री किरेन रिजिजू, भलायकी मंत्री जगत प्रकाश नड्डा आनी काँग्रेसीचे वरिश्ठ फुडारी सोनिया गांधी आनी प्रियंका गांधी हाजीर आशिल्ली

नड्डा 60

सरकारान प्राथमीक, माध्यमीक आनी तृतीयक भलायकी सेवांचो विस्तार करून देशाची भलायकी वेवस्था खूब घटमूट केल्या अशे केंद्रीय भलायकी आनी कुटुंब कल्याण मंत्री जगत प्रकाश नड्डा हांणी सांगलें. नवी दिल्लींत जाल्ल्या 'सेंट्रल काउन्सिल ऑफ हेल्थ अँड फॅमिली वेलफेअर' च्या सोळाव्या अधिवेशनांत उलयतना नड्डा हांणी सांगलें,कि नागरिक आनी भलायकी वेवस्थे मदलो पयलो संपर्क बिंदू म्हूण 1.86 लाख 'आयुषमान आरोग्य मंदिर' स्थापन केल्यात.byte नड्डा

ब्रिक्स 80

ब्रिक्स चेंबर्स ऑफ कॉमर्स अँड इंडस्ट्रीच्या शिश्टमंडळान आयज नवी दिल्लींत विज्ञान आनी तंत्रज्ञान मंत्री डॉ. जितेंद्र सिंह यांची भेट घेतली.नवनिर्माण, स्टार्टअप, उदेते तंत्रगिन्यान, संशोधन सहकार्य आनी उद्देजकते वरवीं ब्रिक्स आनी ब्रिक्स प्लस पर्यावरण प्रणालींत उद्देगीक फुडारपणा खाला जागतीक संलग्नताय आनी सहकार्य घटमूट करपाचेर बसकेंत भर दिल्लो. जागतीक नवनिर्माण केंद्र म्हूण भारताची वाडत आशिल्ली नामना आनी उदयाक येवपी तंत्रगिन्यानांतलें फुडारपण हाका लागून उद्देगीक संघटनांक राष्ट्रीय वाड आनी जागतीक उदरगतींत योगदान दिवपी घटमूट आंतरराष्ट्रीय भागीदारी तयार करपाची आदर्श संद मेळटा अशें ताणी सांगले.

त्रिभास धोरण' 80

केंद्रीय माध्यमीक शिक्षण मंडळान आयज 'त्रिभास धोरण' विशीं मार्गदर्शक तत्वां जारी केल्यांत. सध्याच्या धाविच्या वर्गांतल्या विद्यार्थ्यांच्या गटाक नव्या भास

धोरणाक पाळो दिवचो पडचो ना अशें मंडळान निवेदनांत स्पश्ट केलां. तशेंच, सध्या 7, 8 आनी 9 व्या वर्गांत शिकपी विद्यार्थ्यांक धाविच्या वर्गांत वतकीच तिसऱ्या भाषेची बोर्डाची परीक्षा दिवपाची गरज ना.

फिफा 60

अमेरिकेंतल्या ह्यूस्टन स्टेडियमाचेर आयज रातीं फिफा विश्वचषकाच्या 32 व्या फेरयेंत ब्राझील आनी जपान हांचे मदीं खेळ रातच्या साडे धाक जातलो. 32 व्या फेरयेंत आनीक एक खेळ अमेरिकेंतल्या बोस्टन स्टेडियमांत जर्मनी पॅराग्वे आड फातोडेर 2 वराचेर खेळटलो;

वेदर 70

भारतीय हवामान खात्यान आयज उप-हिमालयीन अस्तंत बंगाल आनी सिक्किमांतल्या काय सुवातींनी व्हड पावस आनी दडकानी पावसाचो रेड अलर्ट जारी केला. तशेंच फुडल्या तीन दिसां खातीर दर्यादेग कर्नाटक, कोंकण, गोंय, लक्षद्वीप, तमिळनाडू, पुडुचेरी, कराईकल, तेलंगणा आनी विदर्भांतल्या काय सुवातींनी पावस पडपाचो अदमास दिला.